**Bankers' Books Evidence Bill (92)**

संसदेन आयज राज्यसभेची मान्यताय मेळ्ळ्या उपरांत 'बँकर्स बुक्स एव्हिडन्स विधेयक, 2026' संमत केला. लोकसभेन हें विधेयक पयलींच संमत केल्लें. हें विधेयक बँकर्स बुक्सा संबंदीत पुराव्यां कडेन नियंत्रण दवरपी कायदेशीर चौकटीचें आधुनीकीकरण आनी डिजिटल बँकिंग पद्दतीं कडेन जुळोवप करतालें अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें. हें विधेयक बँकर्स बुकाच्या इलॅक्ट्रॉनीक आनी डिजिटल रेकॉर्डांक मान्यताय दित, वैध आनी कायदेशीर रितीन अंमलबजावणी करपाक येवपी पुरावे म्हूण मान्यताय दिता. तशेंच हेतून मॅन्युअल, डिजिटल, आनी इलॅक्ट्रॉनीक स्वाक्षरी वरवीं प्रमाणीकरण आनी सत्यापनाची तजवीज आसा. 1891 न कालबाह्य जाल्ल्या चौकटीचे सुवातेर हें विधेयक आयलां अशें मंत्री सीतारामण हांणी सांगलें.

**Asiatic Lion Population (101)**

'संवसारीक शींव दिसा' निमतान भारतांत आशियाई शींवांची लोकसंख्या वाडत आसा, आनी तांची रावपाची सुवात आनी संचारक्षेत्रय वाडटा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हाचो एक लेख शेअर करताना प्रधानमंत्र्यांनी रानवटी जनावरांचें संवर्धन करपा खातीर सरकाराची वचनबद्धताय आनी ह्या वावरांत लोकांनी वांटो घेतलयान मेळील्लो खर आदार हाचेर भर दिलो. ह्या लेखांत म्हणलां, शींवांचें संचारक्षेत्र 2020 वर्सा सुमार 30 हजार चौखण किलोमीटर आशिलें तें 11 जिल्ह्यांनी सुमार 35 हजार चौखण किलोमीटर मेरेन वाडल्या. तशेंच आशियाई शींवांची लोकसंख्या 2015न 523 आशिल्ली ती 2025 मेरेन 891 चेर पावल्यान हें आकडे भारताच्या यशस्वी संवर्धन प्रवासाचे निर्देशक म्हणून फुडें आयल्यात अशें तातूंत नोंद केलां.

**Government Ready for Discussion on Student Protests (40)**

हालींच्या काळांत विद्यार्थी निशेध आनी संबंदीत प्रस्नां विशीं संसदेंत सविस्तर चर्चा करपाक सरकार तयार आसा अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी आयज सांगलें. विरोधकांनी मांडील्ल्या दर एका मुद्द्याक जाप दिवपाक गृहमंत्री अमित शाह तयार आसा अशें म्हणटाना तांणी सांगलें...(byte)

**Jharkhand Student Agitation (101)**

भरती परिक्षेंत जाल्ल्या अनियमिततायेक लागून झारखंडांत सुरु आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांच्या निशेधाचो आयज 17वो दीस. सुरक्षेची कडक वेवस्था आसून सुद्धां विद्यार्थ्यांनी विधानसभे कडेन मोर्चो काडला. झारखंड कर्मचारी निवड आयोगाचे परिक्षेंत जाल्ल्या आरोपीत

अनियमिततायेची स्वतंत्र चवकशी करपाचो आदेश दिवपा संबंदी राज्य सरकाराच्या विलंबवादी वृत्तीचेर केंद्रीय मंत्री संजय सेठ हांणी प्रस्नचिन्न उबें केलें. भाजप खासदार तरुण चुघ हांणी विरोधी पक्ष फुडाऱ्यांनी ह्या निशेधां कडेन दुर्लक्ष केल्ल्याचो आरोप करून विद्यार्थ्यांच्यो कायदेशीर मागण्यो पुराय करच्यो अशी मागणी केल्या.

मजगतीं, भाजप खासदार संजय जयसवाल हांणी संसदेच्या परतपरत व्यत्यय येवपाचेर टिका केली आनी प्रस्तावीत FCRA विधेयकाक लागून समाजसेवे खातीर आशिल्लो निधी राश्ट्रविरोधी कार्यावळीं कडेन वळोवंक मेळचो ना अशें नदरेक हाडून दिलें.

**Government e-Marketplace Growth (86)**

फाटल्या दशकांत ‘सरकारी ई-मार्केटप्लेसा’चें एकूण वेपारी मोल 422 कोटींवल्यान 1 लाख 55 हजार कोटी परस वाडलां. वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें की, 12 लाखां परस चड सूक्ष्म आनी ल्हान उद्देग आनी 42 हजारां परस चड स्टार्टअपांनी ह्या प्लॅटफॉर्माचेर नोंदणी केल्या. GeM प्लॅटफॉर्माक लागून खातीर सर्त वाडयल्या, दर थारोपाची प्रक्रिया सुदारल्या, खरेदीचो वेळ उणो जाला आनी ताका लागून सरकारी बचत जाल्या. ते भायर ह्या प्लॅटफॉर्मान एन्ड टू एन्ड डिजिटल खरेदी प्रक्रिये वरवीं पारदर्शकता वाडयल्या आनी ‘व्हॉकल फॉर लोकल’ आनी ‘मेक इन इंडिया’ सारकिल्या उपक्रमांक चालना दिल्या.

**Weather (45)**

उदेंत राजस्थान, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत आयज व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसून भारतीय हवामान खात्यान ‘ऑरेंज अलर्ट’ जारी केला. तशेंच जम्मू-काश्मीर, झारखंड, कर्नाटक, केरळम, माहे, अस्तंत बंगाल, छत्तीसगड, आनी आंध्र प्रदेशांत फाल्यां मेरेन गडगड आनी वीजेचो आस्पाव असल्याचें हवामान खात्यान कळीत केलां.

**Sports (10)**

अमेरिकेंत जाल्ले संवसारीक एथलेटिक्स अंडर-20 सर्तींत भारतान दोन पदकां मेळयल्यांत.